**म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन 6 डिसेंबराक आंतर उच्च माध्यमिक शाळा प्रस्नमंजुशा सर्तीचें आयोजन**

28 नोव्हेंबर 2023

राज्य सरकारावतीन अनेक समाज कल्याणकारी येवजणांची अंमलबजावणी करपात येता. अशां येवजणांविशीं लोकांमदीं आनी खास करून विद्यार्थ्यीं वर्गामदीं जागृताय करपाच्या उद्देशान म्हायती आनी प्रसिध्दी संचालनालयान 6 डिसेंबर 2023 दिसा इन्स्टिट्यूट मिनेझिस ब्रागांझा हॉल, पणजी हांगा "गोंय सरकारच्यो कल्याणकारी येवजणो" ह्या विशयाचेर राज्य पांवड्यार "आंतर-उच्च माध्यमिक शाळा प्रस्नमंजुशा सर्तीचें आयोजन केला.

ह्या सर्तीत प्रत्येक उच्च माध्यमिक विद्यालयातल्यान चडात चड दोन विद्यार्थी वाटो घेवपाक शकतात.

सर्तीच्या जैतिवंतांक पयले इनाम 15,000/- रूपया, दुसरे 10,000/- रूपया, तिसरे 8,000/- रूपया आनी चौथे 5,000/- रूपयां आनी यादस्तीक भेटयतले.

पयली सर्तकांखातीर 20 प्रस्नांची लेखी मुळावी फेरी जातली आनी ह्या लेखी फेरीतल्यान 4 उत्कृश्ट पंगडांची निवड जातली. हे पंगड ऑडिओ व्हिज्युअल क्विझ सर्तीखातीर पात्र थारतले. ह्या सर्तीखातीर 6 फेरी आसतल्यो. क्विझ मास्टर आनी आयोजकांचो निर्णय अंतिम आसतलो आनी सर्तीत वाटो घेवपी सगळ्याखातीर बंधनकारक आसतलो.

प्रवेशिका स्विकारपाची निमाणी तारीख 4 डिसेंबर 2023 आसा. सर्तीच्या थळार लेगीत प्रवेशिका स्विकारतले. इत्सुक विद्यार्थी आपली नावां whatsapp करपाक शकतात. चड म्हायती खातीर सहाय्यक म्हायती अधिकारी श्री. श्याम गावकर (मो. नं. 9422444624) हांचे कडेन संप्रक करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/912

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan, Panaji – Goa.